**मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं पणजी महापालिकेच्या बायो-डायजेस्टराचे उक्तावण**

ता. 22 जानेवारी 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजी महापालिकेच्या बायो-डायजेस्टराचे उक्तावण केले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान बायो-डायजेस्टर बसोवन पणजी शारांत नितळसाण राखपाचे बरे काम केल्ले खातीर महापालिकेचे अधिकारी आनी नगरसेवकांचे अभिनंदन केले.

बायो-डायजेस्टर प्रकल्पाक लागून कोयराचे योग्य तरेन वेवस्थापन जातले. तशेंच प्लास्टिक कोयर, बायोमेडिकल कोयर, सुको कोयर वेगळो करपाक मदत जातली. त्याच वांगडा कुशील्ल्या कोयराचो वास येवपाचे बंद जातले.

बायो-डायजेस्टर प्रकल्पाक लागून आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपुर्ण गोंय अभियानाक आदार मेळटलो अशें सांगून मुख्यमंत्र्यान राज्यांतल्या सगळ्या नगरपालिकांनी बायो-डायजेस्टर प्रकल्पाक बसोवपा खातीर सरकार मदत करतले म्हणपाचे सांगले.

घनरूप कोयराच्या वेवस्थापनाखातीर महापालिकेक यश आयिल्ले आसा. तशेंच गृहनिर्माण वसणूकांनी आनी वेपारी प्रकल्पांनी शास्त्रोक्त पद्दतीन ओल्या कोयराचेर प्रक्रिया करपा खातीर सुविधा उपलब्ध करतले. टोंकावयल्या कामत इस्टेट निवासी प्रकल्पात पयल्या बायोगॅस प्रकल्पाची उभारणी करपात येतली.

भारत सरकाराच्या बायोटेक्नोलॉजी इंडस्ट्री रिसर्च मंडळान इनोवेशन क्लिन टॅक्नोलॉजी येवजणेखाला पणजी महापालिकेक बायो-डायजेस्टर प्रकल्पांखातीर 2,50,00000/- रूपयांचो निधी दिला. महापालिका 75 ते 1000 किलो तांकीचे बायो-डायजेस्टर बसयतली. बायो-डायजेस्टरां वरवीं ओल्या कोयराचेर शास्त्रोक्त पद्दतीन प्रक्रिया जातली. प्रकल्पांनी तयार जावपी बायोगॅस कॅन्टिनांक पुरवण करतले आनी साऱ्याचो वापर गार्डनांनी करतले. पणजी महापालिका वाठारांतल्या 12 जाग्यांचेर बायो-डायजेस्टर बसयतले.

ह्या वेळार महापौर श्री. उदय मडकयकार, आयुक्त श्री. संजीत रॉड्रिग्स, फ्लायकॅचर टॅक्नोलॉजीचे संस्थापक डॉ. कबीर उदेशी, गोंय बायोडायवरसीटी मंडळाचे वांगडी सचिव आनी नगरसेवक हाजिर आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/103

--
Issued by Department of Information & Publicity